# सावर्डे हांगा स्वयंरोजगार जागृती शिबिराचे आयोजन

ता. 13 जुलय 2018
22 आषाढ 1940

अर्थिक विकास महामंडळान (ईडीसी) ता. 14 जुलय 2018 दिसा सांगेच्या 3.00 वरांचेर सार्वजनिक गणेश उत्सव मंडळ सभाघर, बागवाडा-सावर्डे हांगा सावर्डे मतदारसंघाखातीर स्वयंरोजगार जागृती आनी मदत शिबिराचे आयोजन केला.

आमदार आनी गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दिपक पाऊसकर, आमदार आनी गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल, सांगेचे आमदार श्री. प्रसाद गावकार, आदले आमदार आनी अर्थिक विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळयेकर, सरपंच, पंच आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत हे शिबिर जातले.

वेगवेगळी सरकारी खाती आनी महामंडळाच्या स्वयंरोजगार येवजणांचो फायदो घेवन स्वयंरोजगार सुरू करपाक प्रोत्साहन दिवप हो हया शिबिराचो उद्देश आसा. हया शिबिरात अर्थिक विकास महामंडळ, खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळ, हस्तकला आनी लघु उद्देग महामंडळ, उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खाते, शेतकी खाते, जनावरा सांबाळ खाते, अनुसुचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळ, फळबागायत महामंडळ सहभागी जातले. शिबिरात वेगवेगळया स्वयंरोजगार येवजणांची माहिती दिवन मार्गदर्शन करपात येतले. मार्गदर्शनाखातीर ईडीसी आनी हेर विभागाचे अधिकारी सकाळी 11.00 वरा सावनच शिबिराच्या स्थळार उपलब्ध आसतले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2018/1372